*गोंय सरकार*

*म्हायती आनी प्रसिध्दी खातें*

*पणजी गोंय*

*सरकारी पत्रक*

**गृहरक्षक आनी नागरी संरक्षण स्वंयसेवक समाजाक तोखणायेची सेवा दितात-आयजीपी**

ता. 6 डिसेंबर 2019

गृहरक्षक आनी नागरी संरक्षण स्वंयसेवक गोंय पुलीसांक मदत करून समाजाखातीर मोलादीक सेवा दितात, अशें पुलीस महानिरिक्षक श्री. जसपाल सिंग हांणी आयज पणजे पुलीस मुख्यालयात गृहरक्षक आनी नागरी संरक्षण संघटनेच्या वर्सुकीं स्थापणूक दीस कार्यावळीचे मुखेल सोयरे म्हुण उलयताना सांगले.

श्री. सिंग हांणी उत्कृश्ट सेवे खातीर गृहरक्षक आनी नागरी संरक्षण स्वंयसेवकांचे अभिनंदन केले आनी गृहरक्षकांची सेवा आपवावूरपी आसून खास करून येरादारी वेवस्थेखातीर तांची सेवा म्हत्वाची आसा. तशेंच तांच्या सेवेचो दर्जोय उत्कृश्ट आसा, अशेंय तांणी म्हणले.

गृहरक्षक आनी नागरी संरक्षण स्वंयसेवक विभागाचे उपकमांडण्ट श्री. दिनराज गोवेकर हांणी संघटनेचो इतिहास आनी सेवेची म्हायती दितना राज्यात नातला, नवे वर्स, आनी हेर म्हत्वाच्या प्रसंगार कायदो-सुवेवस्था राखपाक, येरादारी वेवस्था आनी सुरक्षेखातीर मोलादीक सेवा दितात, अशें सांगले.

ह्या वेळार उपस्थितांमदी पुलीस उपमहानिरिक्षक श्री. परमदित्य हे हजर आशिल्ले.

सुरवातीक श्रीमती गीता राणे हांणी मानेस्तांक येवकार दिलो. मानद कंपनी कमांडर श्री. जॉन आगियार हांणी कार्यक्रमाचे सुत्रसंचालन केले. सिनियर प्लाटून कमांडर श्रीमती. कॅरोलिना फर्नांडिस हांणी निमणे उपकार मानले.

म्हा /सप/ जाँआ/ विगां/ 2019/830

DIRECTORATE OF INFORMATION AND PUBLICITY.
THIRD FLOOR,UDYOG BHAVAN,
NEAR AZAD MAIDAN, PANAJI GOA